**डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 10 मार्च 2026

गोंय राज्य सरकाराच्या समाज कल्याण संचालनालयान 25 वर्सां वा चड काळ अनुसूचीत जातीच्या कल्याणाखातीर काम करपी व्यक्तिकडल्यान डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात. 14 एप्रिल 2026 दिसा डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जयंती दिसा रोख 25,000/- रूपया, शाल, श्रीफळ आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात पुरस्कार भेटयतले.

अनुसूचीत जातीतल्या घटकांचो सामाजिक, आर्थिक, शिक्षणीक आनी सामान्य जीणेचो दर्जो सुदारपा खातीर काम करपी व्यक्तिंक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. ह्या पुरस्काराखातीर 60 वर्सां पिरायेवयली गोंयकार व्यक्ती अनुसूचीत जातीच्या कल्याणाखातीर फाटली 25 वर्सां काम करपी आसपाक जाय .

इत्सूक व्यक्तिंनी अर्ज आनी चड म्हायती खातीर समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी गोंय (फोन नं. 2223784, 2232257) हांगा कामाच्या वेळेंत संपर्क करचो. पूर्ण भरिल्ले अर्ज आवश्यक दाखल्यांसयत स्वीकारपाची निमाणी तारीख 25 मार्च 2026 आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/169

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.